Akashvani Panaji
Regional News

7.20 pm 27th Jan 2026

मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी तुये हाॅस्पीटल सुरू करपावीशी खासा बसका घेतली. हयावेळार गोंय वैजकी म्हाविद्यालयाचे सचीव (आरोग्य), भौशीक भलायकी विभाग आनी भलायकी सेवा संचालनालयाचे अधिकारी हाजीर आशिल्ले.हया हाॅस्पीटलाची सद्याच्या सुविधेची मुळावी बांदावळ आनी उपलब्धतायेचो नियाळ घेतले उपरांत 2 फेब्रुवारी 2026 दिसा ही सुविधा भौशीक वापरा खातीर सुरू करपाचीचो निर्णय हया बसकेत जाला,हे सुविधेचें नांव 'सरकारी हॉस्पिटल आनी संशोधन केंद्र, तुये (जीएमसी लिंक)' अशें दवरपाचें आसा. तुयें हॉस्पिटलातल्यो सेवा सुरू करपाविशी मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी बसका घेतली. हे बसकेत तांणी हॉस्पिटलाच्या स्थितीचो नियाळ घेतलो. तुयें हॉस्पिटलात 2 फेब्रुवारी सावन सगळ्यो सेवा सुरू जातल्यो. सरकारी हॉस्पिटल आनी संशोधन केंद्र, तुयें अशें हॉस्पिटलाचे नाव आसतले, अशी म्हायती मुखेलमं डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. मेडीसीन, सर्जरी, ऑर्थोपेडिक्स, गायनोकोलॉजी, डेन्टीस्ट्री, ऑफ्थॉलमोलोजी, पेडिएट्रिक्स, आयुश, फिजीओथेरपी,सायकेट्री, ईएनटी, रेडिओलॉजी आनी स्कीन हयो 13 ओपीडी सुरू जातल्यो. येत्या 4 म्हयन्यात ऑपरेशन थिएटरा सुरू जातली. दोतोर, नर्सी, एमटीएस, सुरक्षा, हाऊजकिपिंग हया सगळ्या कर्मचाऱ्यांची वेवस्था करपाचो निर्णय बसकेत जाला. वैजकी, शस्त्रक्रिया, आर्थोपेडिक्स, गियनेकाॅलोजी, दंतचिकित्सा, नेत्रविज्ञान, बालरोगविज्ञान, आयुश, फिजियोथेरपी, मानसोपचार, ईएनटी, रेडियोलॉजी आनी कातीचे अशे वट्टा13 ओपीडी 2 फेब्रुवारी 2026 सावन कार्यान्वीत करपाचे आसात.हयो ओपीडी गोंय वैजकी म्हाविद्यालय आनी भलायकी सेवा संचालनालयांतल्या दोतोरां वांगडा कार्यान्वीत करतले. तशेंच 'नॅशनल सेंटर फॉर डिजीज कंट्रोल' आनी हेर अशा नामनेच्या संशोधन संघटनांच्या सहकार्यान भलायकी सेवेंत प्रगत संशोधन करपा खातीर हे सुविधेंत समर्पीत संशोधन केंद्र स्थापन करपाचो निर्णय घेतलो.हया ओटींचें संचालन करपाचीं कामां पयलींच चालीक लावपाचे प्रक्रियेंत आशिल्ल्यान 4 म्हयन्यां भितर ऑपरेशनल थिएटर सुरू जातली.पेडणे आनी भोंवतणच्या वाठारां खातीर विकसीत केल्ली एक गंभीर सुविधा आशिल्ल्यान ही सुविधा सुरू केल्ल्यान भलायकी सेवा खातीर दुयेंतींक उत्तर गोंय जिल्लो हॉस्पिटल आनी जीएमसी बांबोलीम हांगा वचपाची गरज उणी जातली.

उर्जा क्षेत्रांत भारताच्या जागतीक फुडारपणाचेर भर दिवपी आंतरराष्ट्रीय परिशद इंडिया एनर्जी वीक 2026 दक्षिण गोंयांतल्या ओएनजीसींत जाली. 'एनरिचिंग इकोनॉमी, लायव्हस बाय एनकोरिंग एनर्जी ग्रोथ' हे संकल्पनेचेर आदारीत हे परिशदेचें उक्तावण भव्य उक्तावण करून जालें.केंद्रीय पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्री हरदीप सिंग पुरी, संयुक्त अरब अमीरात उद्देग आनी प्रगत तंत्रज्ञान मंत्री आनी एडीएनओसी गटाचे सीईओ डॉ सुलतान अल जाबीर, मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हयावेळार हाजीर

आशिल्लो. मुख्यमंत्री सावंत हांणी देश-विदेशांतल्या सगल्या मंत्री, तज्ञ आनी प्रतिनिधींक गोंयांत येवकार दिलो. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या रिमोट (आभासी) भाशणान उक्तावण सुवाळ्याक खाशेली उंचाय मेळ्ळी.. ह्या परिशदेंत 120 परस चड देशांतले सुमार 75 हजार वेवसायीक आनी तज्ञ प्रतिनिधी वांटो घेतल्यात, देखून भारत उर्जा सप्तक-2026 अशें मुख्यमंत्री सावंत हांणी सांगलें संवसारीक उर्जा सुरक्षे खातीर हें एक म्हत्वाचें मंच जालां. उर्जा संक्रमण, निवळ इंधन, हायड्रोजन, जैव इंधन, उर्जा सांठो आनी नवनिर्माण हांचे विशीं हे परिशदेंत खोलायेन चर्चा जातली.गोंय राज्य पाचव्या आनी निळ्या अर्थवेवस्थे कडेन वता आनी अशी आंतरराष्ट्रीय परिशद घडोवन हाडल्यार राज्याक संवसारीक मान्यताय मेळटली अशें मुख्यमंत्री सावंत हांणी सांगलें.

परिशदेत जगभरांतल्यान ऊर्जा क्षेत्रांतले तज्ञ, धोरणकर्ते आनी ऊर्जा क्षेत्रांतले उद्देजक सहभागी जाल्यात.  परिशदेंत ऊर्जा विकास, आंतरराष्ट्रीय तेल,  अर्थिक सुरक्षा, शाश्वत ऊर्जावाड आदी विशयांचेर चर्चा जातली. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी व्हिडियो संदेशा वरवीं  परिशदेच्या उक्तावण कार्यक्रमात संबोधन केले. **Byte pm energy week** भारत ऊर्जा सप्तक परिशद ऊर्जा विकासाचेर चर्चा करपाक जागतिक व्यासपीठ आशिल्ल्याचें सांगलें. तांणी पेट्रोलियम उत्पादकांच्या मुखेल निर्यातदारकांमदी भारताची भुमिका स्पश्ट करतना  मेक इन इंडिया, स्केल इन इंडिया आनी इनवेस्ट इन इंडिया धोरणा खाला संशोधन, रिफायनिंग, एलएनजी, शिपबिल्डिंग आनी पेट्रोकेमिकल्स क्षेत्रांत गुंतवणूकीची गरज उक्तायली तशेंच जागतीक गुंतवणूकदारांक भारतांत स्केल करपाक आनी गुंतवणूक करपाचें स्पश्ट आवाहन केलें.. **Byte Pm refining cap**मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी भारत ऊर्जा सप्तक परिशदेंच्या माध्यमातल्यान ऊर्जा विकासाच्या मळार जागतिक व्यासपीठ उपलब्ध जाल्ल्याचे  सांगून देशात  प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणाखाला ऊर्जा संशोधनाच्या मळार सतत प्रयत्न चालू आशिल्ल्याचे सांगलें.

नवी दिल्लीत लाल किल्ल्या सामकार आयोजीत “भारत पर्व 2026” उत्सवात “स्वतंत्रता का मंत्र-वंदे मातरम” ह्या संकल्पेवयलो गोंय राज्याचो चित्ररथ प्रदर्शीत केला. प्रजासत्ताक दीस उत्सवाचो भाग म्हूण भारत सरकारच्या पर्यटन मंत्रालया वतीन भारताची संस्कृती, कला, खाणांजेवणां आनी अध्यात्मिक वारशाचेर भारत पर्व उत्सव आयोजीत करतात. भारत पर्व उत्सव 31 जानेवारी 2026 मेरेन लोकांखातीर उकतो आसतलो.कैंद्रीय संरक्षण मंत्रालय आनी राज्य सरकारामदी  प्रजासत्ताक दीस संचलनात राज्य/संघप्रदेशांचे चित्ररथ निवड करपाची प्रक्रिया आनी नेमांच्या कबलाती प्रमाण ह्या वर्सा गोंयचो चित्ररथ भारत पर्व उत्सवात प्रदर्शीत केला. घोडेमोडणी, पारंपरीक लोकनाच आनी हेर वारशाचें दर्शन घडटा.गोंयचो चित्ररथ तयार करपाचे काम नवी दिल्लीत राष्ट्रीय रंगशाळा शिबीरात जाले. श्री. सुशांत खेडेकर हांच्या देखरेखीखाला कलाकारांनी  चित्ररथ तयार करपाचे काम केले. चित्ररथाक डॉ. साईश देशपांडे हांचे संगीत लाभला. भेसवण संगीता खेडेकर जाल्यार लोकनाचाची

जबाबदारी दिनेश प्रियोळकर हांणी सांबाळल्या. "भारत पर्व" उत्सवात हेर राज्यां आनी संघप्रदेशांतल्या स्टॉलांसयत गोंय सरकारच्या पर्यटन खात्यान राज्यातल्या पर्यटनाक प्रोत्साहन दिवपा खातीर स्टॉल घातला.

goa संघेम हांगाच्या जीसीए मैदानाचेर जाल्ल्या कर्नल सी के नायडू ट्रॉफी एलिट गट ए चार दिसांच्या मॅचींत बारोडा आड 236 धांवड्यांनी हार खावची पडली

weather

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण आयज पणजेत चडात चड तापमान 32.6 औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे 22.8 औंश सेल्सिअस नोंद जाला.